**म्हायती खात्याच्या राज्य पांवड्यावयल्या फोटो सर्तीचो निकाल जाहीर**

ता. 26 ऑक्टोबर 2023

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस 2023 कार्यक्रमाचो भाग म्हूण आयोजीत केल्ल्या गोंय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शन येवजण – 2014 चो निकाल जाहीर केला. "गोंयची पारंपरीक पाककला" आनी "गोंयांतली ग्रामीण जीण" ह्या विशयांचेर दोन विभागांत ही सर्त आयोजीत केल्ली.

"गोंयची पारंपरीक पाककला" ह्या विशयावयल्या विभागांत पयले इनाम कु. ऐश्वर्या रिवणकर, वेळ्ळी साश्ट, दुसरे इनाम श्री. केतन गोलतकर, रायबंदर आनी तिसरे इनाम गोंय पत्रकार संघाचे अध्यक्ष आनी सिनियर फोटोग्राफर श्री. राजतिलक नाईक हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी इनाम श्री. गणेश शेटकर (लोकमत), हेमंत परब (नवहिंद टाईम्स), कु. स्नेहा आशिष लोटलीकर, कुंकळ्ळी म्हार्दोळ, सिध्देश मयेकर, सांताकृज आनी प्रशांत शिरोडकर, मळा पणजी हांका फावो जाला.

"गोंयांतली ग्रामीण जीण" ह्या विशयावयल्या विभागांत पयले इनाम अथर्व साळगांवकर, अडवलपाल दिवचल, दुसरे इनाम नारायण पिसुर्लेकर (गोवन एव्हरिडे) आनी तिसरे इनाम हेमंत परब (नवहिंद टाईम्स) हांका फावो जाला.

उमेद वाडोवपी इनाम श्याम अनंत गावस, पडोसे सत्तरी, कु. अक्षदा राणे, गणेश शेटकर, रोहन फर्नांडिस आनी उपेंद्र नाईक हांका फावो जाला.

सर्तीच्या जैतिवंतांक 16 नोव्हेंबर 2023 दिसा राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसा आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमात इनामां भेटयतले.

छायाचित्रकार श्रीमती आसावरी कुळकर्णी, चंदन नाईक आनी लॉरेन्स फर्नांडिस हांणी सर्तीचे परिक्षण केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/840

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.